RAJASHRI नॅशनल 26.03.2025 @ 6.30 PM

BLO 150

वेचणूक आयोगान आज नवी दिल्लीत एक लाखा परस अधिक बूथ लेव्हल ऑफिसर्स (बीएलओ) खातीर पयलो प्रशिक्षण कार्यक्रम सुरू केलो. मुखेल वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हाणी वेचणूक आयुक्त डॉ. विवेक जोशी हांचे वांगडा राष्ट्रीय राजधानीतल्या इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डेमोक्रसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट (आय आय आय डी ई एम) हांगा आयोजित प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण केले.

बिहार, पश्चिम बंगाल आणि आसामात शंभरा परस चड बीएलओ, बिहार, पश्चिम बंगाल, आसाम, केरळ, पुडुचेरी आणि तामिळनाडूतल्या २४ वेचणुक नोंदणी अधिकारी आणि १३ जिल्हो वेचणूक अधिकाऱ्यां सयत दोन दिसांच्या निवासी प्रशिक्षण कार्यक्रमात सहभागी जातात

माध्यमांकडे उलयताना मुखेल वेचणुणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हाणी म्हणले की, भारतातली वेचणुणूक ही जगातली सगळयात व्हड आसा आणि ही वेचणूक आयोजित करपाक वेचणूक आयोग १० लाख पन्नास हजार बूथ करता. ताणी सांगले की, एक लाखा परस अधिक बीएलओ क प्रशिक्षण कार्यक्रमात प्रशिक्षित करतले. आयोगान आपल्या निवेदनात म्हणला की, फुडल्या काय वर्सात प्रति १० मतदान केंद्रात सरासरी एक बीएलओ आशिल्या एक लाखाहून अधिक बीएलओक अशा प्रशिक्षण कार्यक्रमांमध्ये प्रशिक्षित करतले.

Sc 110

सर्वोच्च न्यायालयान अलाहाबाद उच्च न्यायालयाच्या वादग्रस्त आदेशाक स्थगिती दिली आणि म्हणला की या निकालात "संवेदनशीलतेचो उणाव" दिसून आयला. अलाहाबाद उच्च न्यायालयाच्या वादग्रस्त आदेशात अशेय म्हणला की थानाक धरप वा पायजम्याची दोरी तोडप यासारख्या कृत्यांक बलात्काराचो प्रयत्न माननात आणि बलात्काराच्या आरोपी आडचेआरोप सिद्ध करपाक फिर्यादी पक्षान या "तयारीच्या टप्प्या" पलतडी वचचे अलाहाबाद उच्च न्यायालयाच्या १७ मार्चच्या आदेशाविरुद्ध 'वी द वुमन ऑफ इंडिया' या संघटनेन सर्वोच्च न्यायालयात धाव घेतल्या उपरांत सर्वोच्च न्यायालयान या प्रकरणाची स्व दखल घेतली. न्यायाधीश बीआर गवई आणि ऑगस्टीन जॉर्ज मसीह हांच्या खंडपीठान म्हणला की या निकालात उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधीशांच्या संवेदनशीलतेचो उणाव दिसून येता. सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र आणि उत्तर प्रदेश सरकारकडच्यानुय जाप मागल्या आणि सॉलिसिटर जनरल तुषार मेहता आणि एटर्नी जनरल आर वेंकटरमणि हांचीय मदत मागल्या.

SAUGAAT E MODI 120

ईदाच्या आदी देशभरातल्या ३२ लाख वंचित मुस्लिमांक विशेष किट वाटपाचे उद्दिष्ट भाजप अल्पसंख्याक मोर्चा सौगत-ए-मोदी मोहीम सुरू केल्या . गरीब मुस्लिम कुटुंबा कसल्पाच अडचणी शिवाय हो सण मनोवंक शकतले हाची खात्री करपाक हो उपक्रम सुरू केला

आकाशवाणी न्यूजाकडे उलयताना, भाजप अल्पसंख्याक मोर्चाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जमाल सिद्दीकी हाणी मोहिमेच्या व्यापक दृष्टिकोनाची रूपरेषा मांडली आणि सांगले की, पवित्र रमजान महिन्यात आणि ईद, गुड फ्रायडे, ईस्टर, वैशाखी, नौरोज आणि भारतीय नवेवर्स् यासारख्या आगामी प्रसंगार, सौगत-ए-मोदी मोहिमे वरवी अल्पसंख्याक मोर्चा गरजूं मेरेन पावतलो.

मोहिमेचो एक भाग म्हणून, अल्पसंख्याक मोर्चाचे ३२ हजार कार्यकर्ते देशभरातल्या ३२ हजार मशिदीं वांगडा सहकार्य करून गरजूं मेरेन पावतले. काल, भाजपचे राष्ट्रीय सरचिटणीस आणि अल्पसंख्याक मोर्चाचे प्रभारी दुष्यंत कुमार गौतम हाणी राष्ट्रीय राजधानीतल हजरत निजामुद्दीन परिसरात सिद्दीकी हांच्या उपस्थितीत सौगत-ए-मोदी मोहिमेअंतर्गत किटचे वाटप केले..

KHELO INDIA 90

दिल्लींत जाल्ल्या खेलो इंडिया पॅरा खेळां सर्तीच्या सातव्या दिसा पॉवरलिफ्टर आनी टेबल टेनिस खेळगड्यानी एकामेकां आड बेस बरो खेळ करून बरी कामगिरी केली.

पॅरा पॉवरलिफ्टिंग एलिट 107 किलो विभागांत दिनेश बगाडे हांणे भांगरा पदक जिखलें, जाल्यार दिव्येश लादानी हांणी रुप्या पदक मेळयलें, आनी जोगिंदर सिंग हाणें कांस्य पदक जिखलें. एलिट 86 किलो वर्गांत अरुणमोली अरुणागिरीन भांगरा पदक, प्रभाबेन शियाल हांणी रुप्या पदक मेळयलें आनी Samimben Vohra हाणें कास्य पदक जिकंले. मजगतीं, पॅरा टेबल टेनिसांत पात्रता फेरयेंत सुवात मेळोवपा खातीर खेळगड्यांनी बळिश्ट कामगिरी दाखयली. टेबल टेनिस खेळगडी काजल मखवाना उपांत्य फेरयेंत पावली.

IMD 80

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाखात हळुवार ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीन शुक्रारा आनी शेनवारा अरुणाचल प्रदेशात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचोय अदमास काडला.

शुक्रारा मेरेन गिलगित, बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद आनी उत्तराखंडात वीज आणि गडगडडा सयत हळुवार ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास एमडीन उक्तायला. फाल्यां मेरेन हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबांतुय असोच पावस पडपाचो अदमास आसा. फुडल्या तीन दिसांत तमिळनाडू, पुडुचेरी, दर्यादिगेवेलो आंध्र प्रदेश आनी यानम ह्या वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती पातळटली असो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला.

JOSHI 95

अन्न आणि भौशिक वितरण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगले की, सरकार अन्न भेसळीच्या कागाळीचेर कडक आणि बेगोबेग कारवाय करता. आज लोकसभेत पुरवणी प्रश्नांक जाप दिताना जोशी हाणी म्हणले की, अन्न भेसळीच्यो कागाळी येताच सरकार चौकशी करता आणि अन्नपदार्थ मानवी वापराक योग्य नासल्यार फौजदारी कारवाय लेगीत करता. वेगवेगळया अन्नपदार्थांच्या चाचणी खातीर, FSSAI कडे देशभरात २४२ प्रयोगशाळा, चार संदर्भ प्रयोगशाळा आणि मोबायल अन्न चाचणी प्रयोगशाळा आसात. अन्न भेसळीबद्दल लोकांक जागरूक करपाक सरकार सोशल मीडियाचो व्हडा प्रमाणात वापर करता अशे ताणी सांगले. दुसऱ्या प्रश्नाक जाप दिताना  जोशी हाणी म्हणले की, ग्राहक संरक्षणा खातीर राष्ट्रीय ग्राहक हेल्पलाइन एक व्ड साधन जाला.